*गोंय सरकार*

*म्हायती आनी प्रसिध्दी खातें*

*पणजी गोंय*

*सरकारी पत्रक*

**वीरज्योती पुरस्कारा खातीर अर्ज मागयल्यात**

ता. 15 ऑक्टोबर 2019

बायलां आनी भुरगीं उदरगत संचालनालयावतीन 2016 वर्सा सावन वीरज्योती पुरस्कांर दिवपात येतले आनी हे पुरस्कांर प्रजासत्ताक दिसा भेटयतले. मानपत्र आनी रोख रू. 20,000/- अशें पुरस्काराचे स्वरूप आसा. गोंय राज्यांतल्यो दोग बायलो वा चलयांक प्रत्येक वर्सा (2016 सावन) अशें पुरस्कार दितले.

बायलां आनी चलयांक तांचे हक्क मेळोवपाक, तांची स्थिती सुदारपाक, लिंग भेदभाव पयस करपाक आनी समाजात बायलां आनी चलयांचो आदर आनी व्हडपण वाडोवपाक प्रोत्साहन दिवप हो ह्या पुरस्काराचो उद्देश आसा.

गोंय राज्यांत खंयचीय बायल वा चलयेन खास करून प्रतिकुल परिस्थितीत आपल्याआड वा हेर खंयचीय बायल वा चलयेआड घरांत, कामाच्या थळार वा हेर भौशीक थळार खंयच्याय प्रकारात जाल्लो अत्याचार, हिंसा वा सतावणूकीआड झगडपाक असामान्य वीरताय आनी धाडस दाखयिल्ल्या आनी समाजात तांचो आदर आनी प्रतिश्ठेखातीर संघर्श केल्ल्या समाजातल्या खंयच्याय घटकांतली बायल वा चली जांव मागीर ती घरकान्न, घरांतली कामवाली, संस्थांतली भुरगीं, वेवसायिक, समाज सेवीका वा हेर बायल वा चली पुरस्कारा खातीर अर्ज करपाक शकता. ह्या पुरस्कारा खातीर अर्ज करपी खंयचीय बायल वा चली संबंदीत वर्साची 1 जानेवारी ही पात्र तारीख धरून फाटली पाच वर्सा गोंयांत राबीतो करपी आसपाक जाय. तीणे अशाच धाडसा खातीर हेर खंयचोय पुरस्कार घेतिल्लो आसपाक जायना.

पात्र बायलां आनी चलयांनी आपलो अर्ज सॉफ्ट कॉपी (CD) आनी हार्ड प्रिंट खात्याच्या www.dwcd.goa.gov.in ह्या संकेत थळावयल्यान डाऊनलोड करपाक मेळपी विहित नमुन्यात वा खात्यात उपलब्ध आशिल्ल्या विहित नमुन्यातल्यान ता. 30 ऑक्टोबर 2019 मेरेन बायलां आनी भुरगीं उदरगत संचालनालय, पोरणी शिक्षण खात्याची इमारत, दुसरो माळो, 18 जून मार्ग, पणजी हांगा सुपुर्द करपाक जाय. मुदती उपरांत आयिल्ल्या अर्जांचो विचार जावचो ना.

चड म्हायती खातीर खात्याच्या www.dwcd.goa.gov.in ह्या संकेत थळार भेट दिवची वा 2235308 / 2426112 ह्या फोन नंबरा वयल्यान संपर्क करचो.

म्हा /सप/ जॉआ/ विगां/ 2019/701

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.

THIRD FLOOR, UDYOG BHAVAN,

NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA

-

-

-